**एससी / ओबीसी महामंडळवतीन “स्माईल” येवजणेची अंमलबजावणी**

ता. 21 जून 2021

गोंय राज्य अनुसूचीत जाती (एससी) आनी हेर मागास वर्ग (ओबीसी) वित्त विकास महामंडळावतीन कोवीडाक लागून मरण आयिल्ल्या कमोवपी व्यक्तिच्या लागीच्या एससी / ओबीसी कुटुंबातल्या गरजू गरीब व्यक्तिखातीर केंद्र पुरस्कृत “स्माईल” येवजण राबोवपात येतली.

कोवीडग्रस्त कुटुंबाक उपजीवीकेचे साधन निर्माण करून तांतूतल्यान शाश्वत उत्पन्न मेळटले हो येवजणेचो उद्देश आसा. “स्माईल” येवजणेखाला पतपुरवण भांडवलाच्या अनुदानाच्या रूपात प्रकल्प खर्चाच्या 20% मेरेन चडांत चड १ लाख रूपया प्रत्येक लाभार्थ्याक अर्थिक मदत दिवपाचो प्रस्ताव आसा. मरण आयिल्ल्या व्यक्तिच्या लागीच्या नातेवाईकाक ताच्या / तिच्या कुटुंबाक खंयच्याय गरजे आदारीत आपरोजगाराखातीर 5 लाख खर्चा मेरेनच्या प्रकल्पाखातीर ही मदत दिवपात येतली.

अर्जदार अनुसूचीत जाती / ओबीसी वर्गातलो वांगडी आसपाक जाय, अर्जदारांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 3 लाखामेरेन आसपाक जाय आनी मरण आयिल्ल्या कमोवपी व्यक्तिची पिराय 18 ते 60 वर्सां मजगती आसपाक जाय.

येवजणेखातीर निवड जाल्ल्या रिणधारकाक ताच्या क्षमता वाडिखातीर आवश्यक कुशळटाय / उद्योजकीय माहिती दिवपात येतली. नॅशनल एपेक्स कॉर्पोरेशन, राष्ट्रीय मागस वर्ग वित्त विकास महामंडळाक अर्ज धाडचेपयली लावधारकांची डाटाबेज तयार करपात येतली.

इत्सुकांनी आपले अर्ज वॉट्सॅप नंबर 9657952848 चेर वा goapbc@gmail.com ह्या ई-मेलाचेर वा गोंय राज्य अनुसूचीत जाती (एससी)

आनी हेर मागास वर्ग (ओबीसी) वित्त विकास महामंडळ, 4 थो माळो, पाटो सेंटर, केटीसी बस स्टँड जवळ, पणजी ह्या नाम्याचेर पोस्टातल्यान धाडचे. चड म्हायतीखातीर श्री संजय पेडणेकर, सहाय्यक वेवस्थापक (प्रकल्प), फोन नं. - 0832- 2438180 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/540

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji